22 January 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीत वेंचणुकेच्या फाटभुयेर, भाजपाच्या बूथ पावड्यावेल्या कार्यकर्त्यांकडेन, संवाद सादतले.
- केंद्र सरकार आयज, बेटी बचाओ - बेटी पढ़ाओ अभियानाक, 10 वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान, नवी दिल्लीत कार्यावळीचे आयोजन करता.
- केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी हाणी काल, गोंयांतल्या वेगवेगळ्या म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण करून, ते राष्ट्राक समर्पित केले.
- उत्तरप्रदेशचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ आयज, प्रयागराजांत, खाशेली मंत्रीमंडळ बसका घेतले.
- कोलकाताच्या ईडन गार्डन्सांत जावपी, टी-20 माळेंतल्या पांच मॅचींतल्या पयल्या मॅचींत, आयज सांजे, भारत इंग्लंडा आड खेळतलो.

पीएम दिल्ली भाजपा -

दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर वेगवेगळ्या राजकी पक्षांनी आपलो प्रचार, चड खर केला. प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी आयज दनपारां, 'मेरा बूथ सबसे मजबूत' कार्यावळीखाला नामो ॲपा वरवीं, पक्षाच्या बूथ पावड्यावेल्या कार्यकर्त्यांकडेन, संवाद सादतले. बूथ पावड्यावेल्या कार्यकर्ते वांगडा पक्षाचे खासदार, आमदार, नगरसेवक, पदाधिकारी ह्या कार्यावळीक हाजीर आसतले. सदर बाजार विधानसभा मतदारसंघांतल्या, इंदरलोक वाठारांत आयज काँग्रेसीचे वरिश्ठ फुडारी आनी लोकसभेंचे विरोधी पक्ष फुडारी, राहुल गांधी भौशीक बसकेंत उलोवप करतले.

बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ -

सरकार आयज, बेटी बचाओ - बेटी पढ़ाओ येवजणेची, 10 वर्सां पुराय करता. चलये भुरग्याची राखण, शिक्षण, आनी सशक्तीकरण करपाच्या अविरत यत्नांक एक दशक जालां. बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयान सांगलें, कि नवी दिल्लींत हे निमतान जावपी कार्यावळींत, सशस्त्र दळ, पॅरा लश्करी दळ, दिल्ली पुलीस, चलयो विद्यार्थी आनी आंगनवाडी कामगार ह्या बायला अधिकाऱ्यांचो, वांटो आसतलो. मंत्रालयान सांगलें, कि 10 वर्सा पुराय जाल्ल्याचो हो उत्सव, आयच्यान, 8 मार्च मेरेन, आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा मेरेन चलतलो. राज्य आनी जिल्हो पांवड्यार, अशे तरेच्यो कार्यावळी आयोजीत करतले.

Nitin Gadkari Goa -

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हाणी गोंयांतल्या वेगवेगळ्या म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण केले तशेच ते राष्ट्राक समर्पित केले. देशांत दर वर्सा रस्तो अपघातांत सुमार 1 लाख 80,000 लोकांक मरण येता आनी शाळेंचे प्रवेश आनी भायर सरपाचे सुवातेर लेगीत रस्ते सुरक्षीत ना आनी सरकारान तें सुदारपाचो यत्न करचो अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगले. ते काल गोंयांतल्या वेगवेगळ्या म्हामार्ग प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर बसयतना उलयताले. ह्या उक्तावण जाल्ल्या प्रकल्पांक लागून क्रूझ पर्यटन आनी आयात-निर्यात क्षेत्राक चालना मेळटली अशें गडकरी हांणी फुडें सांगलें. गोंय प्रदुशण मुक्त तशेच अपघातमुक्त करपा खातीर गोंय सरकारान यत्न करचे अशें आवाहन तांणी केलें. तशेंच म्हामार्गांच्या कुशीक झाडां रोवपाची तरतुद करची अशी शिफारस तांणी केल्या.

Gadkari Audio Played

वेर्णा ते मुरगांव चारपदरी मार्ग मुरगांव बंदराकडे जोडपी ६४४ कोटी रूपया खर्चाच्या उड्डाण पूलाचें उक्तावण तशेंच ४२०० कोटी रुपया खर्चाच्या गोंयातल्या चार वेगवेगळ्या म्हामार्ग प्रकल्पांचे वर्चुअल प्रद्धतीन उक्तावण केल्या उपरान्त केंद्रीय मंत्री उलयताले.

मुरगांव बंदराक जोडपी मार्ग उकतो जाल्ल्यान मुरगांव बंदरातलो व्यवसाय वाढोवपाक मजत जातली तशेंच पर्यटक व्यवसाय वाडटलो अशी म्हायती केंद्रीय मंत्री गडकरी हाणी दिली. नवो मार्ग तयार जाल्ल्यान आता वास्को शांर आनी सरभोवतणी जावपी प्रदुषण नियंत्रणा खाला येतलें अशेय ताणी सांगले.

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणें आपणाल्या उलोपांत मुरगांव बंदरातलो नवो उड्डाण पूल येरादारी खातीर उकतो जाल्ल्यान मुरगांव बंदर, रेल्वे आनी विमानतळ हांचे मदी आता संपर्क उरपाक मदत जातली. फाटल्या ११ वर्साक केंद्र सरकारान गोंया खातीर ४० हजार कोटीची मजत दिल्ल्याचें सांगताना डबल इंजीन सरकार आशिल्ल्यान हे शक्य जाला अशें डॉ. सावंत हाणी म्हळा.

मंत्रीमंडळ बसका युपी - 80

उत्तर प्रदेश सरकाराची आयज खाशेली मंत्रीमंडळ बसका, प्रयागराजांत जातली. आयज दनपारां अरायल वाठारांतल्या, त्रिवेणी संकुलांत जावपी बसकेचे अध्यक्षपद उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ करतले. उत्तर प्रदेश सरकाराच्या सगल्या 54 मंत्र्यांक, हे बसकेक हाजीर रावपाक आपयलां. आदीं मेला प्राधिकरणाच्या सभाघरांत ही बसका थारायल्ली पूण, संगमांत पवित्र स्नान घेवपाक, महाकुंभाक भेट दिवपी भक्तांक आनी यात्रेकरुंक असुविधा जावची न्हय, म्हणून स्थळ बदल्ला. हे बसके वेळार, मंत्रीमंडळान, राज्या खातीर जायत्या म्हत्वाच्या प्रस्तावांक आनी येवजण्यांक मान्यताय दिवपाची, आस्त आसा.

जयशंकर -

परराश्ट्र वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हांणी काल रातीं, अमेरिकेचे विदेश सचीव मार्को रुबियो हांचे कडेन द्विपक्षीय बसका घेतली. दोनूय फुडाऱ्यांनी आपल्या विस्तारीत द्विपक्षीय भागीदारीचो नियाळ घेतला तशेंच प्रादेशिक आनी जागतीक विंगड विंगड प्रस्नांचेर, विचारांचोय दिवप- घेवप केला, अशें डॉ जयशंकर हांणी, सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलें. काल रातीं वॉशिंग्टन डी.सी.त जाल्ले क्वाड परराश्ट्र मंत्र्यांचे बसकेक, डॉ जयशंकर हाजीर आशिल्ले. सोशल मिडिया पोस्टांत  मंत्री जयशंकर हाणी

सांगलें, ही बसका ट्रम्प प्रशासना  भितर जाली. हाचेवेल्यान आपल्या वांगडी देशांच्या परराश्ट्रीय धोरणांत, ताका कितलें प्राधान्य आसा, ते कळता, अशें तांणी सांगलें. मुक्त, उक्तो, स्थिर आनी समृध्द भारत-पॅसिफिक प्रदेश, सुनिश्चीत करपाच्या वेगवेगळ्या आयामांचेर फुडाऱ्यांनी चर्चा केली. व्हड विचार, खोलायेन चर्चा  आनी सहकार्य हाचेर मंत्री जयशन्कर हांणी एकमत उक्तायले. अनिश्चीत आनी अस्थिर संवसारांत, क्वाड हि, संवसारीक बऱ्या खातीर एक शक्त जातली, असो स्पश्ट संदेश ही बसका दिता, अशेंय तांणी सांगलें.

Bharat Mobility Global Expo-2025 80

राष्ट्रीय राजधानींत भारत मंडपांत जावपी भारत मोबिलिटी ग्लोबल एक्स्पो-2025 खातीर देशभरांतल्यान वाहन मोगी व्हड आयालयात. ह्या कार्यावळीत तांकां नव्यान सुरू केल्ल्या आनी प्रगत वाहनांविशी म्हायती मेळातली. इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी व्हिंटेज गाडयो हें पर्यटकांमदीं लोकप्रिय आकर्शण. सायकल, स्कूटी, डिलिव्हरी वाहनां अशीं दोन चाकीं आनी तीन चाकीं वाहनांय लोकांक आकर्शीत करपाक लागल्यात. भारत मोबिलिटी ग्लोबल एक्स्पोंतय बेगीनच बाजारांत हाडपाच्यो गाडयो दाखयल्यात. आयज ह्या प्रदर्शनाचो निमाणो दीस. नोंदणी केल्या उपरांत पर्यटकांक सकाळीं 10 ते सांजे 6 मेरेन भेट दिवंक मेळटा.

बांगलादेश चीन हॉस्पिटल - 150

बांगलादेशी दुयेंतींचेर उपचारा खातीर, कुन-मिंगांत हॉस्पिटलां नियुक्त करची, अशें ढाकान बीजिंगाकडेन मागलां. बांगलादेशान ढाका हांगा, खाशेलें चीनी हॉस्पिटल स्थापन करपाचोय, प्रस्ताव मांडलो. मंगळारा बांगलादेशाचे परराश्ट्र सल्लागार तौहीद हुसेन आनी चीनाचे परराश्ट्र मंत्री वांग यी हांचे मदीं, बीजिंगांत जाल्ल्या द्विपक्षीय उलोवणी वेळार, हे संबंदी चर्चा जाल्ली, अशें बांगलादेशाच्या परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां. बांगलादेशाचे सल्लागार 5 दिसांच्या, चीन भेटीर आसा. बांगलादेशी वैजकी पर्यटन तज्ञांच्या म्हणण्या प्रमाण, बांगलादेशी दुयेंती खातीर चड काळ वैजकी व्हिसा अडचण आयल्यार, कुन-मिंग हो चेन्नयखातीर, बरो पर्याय जावंक शकता. फाटल्या वर्सा 5 ऑगस्टा पयलीं,

बांगलादेशी दुयेंतींक भारतीय मेडिकल व्हिसा सुविधा, खूब सोपी आशिल्ली आनी भारतांतल्या चेन्नई, कोलकाता, हैदराबाद, बेंगळुरू आनी हेर शारांतल्या हॉस्पिटलांनी, परवडपी आनी त्रासमुक्त भलायकी-उपचाराक लागून, तांच्या दुयेंतीक हे खूब सोयीचे आशिल्ले. पूण दोनूय देशां मदल्या राजनयिक तणावांत, सध्या भारत फकत गंभीर दुयेंती खातीर, बांगलादेशांतल्या लोकांक वैजकी व्हिसा दिता. हे परिस्थितीक लागून, बांगलादेशी नागरिक भारतीय भलायकी सुविधांचे, हेर पर्याय सोदपाक लागल्यात.

क्रिकेट -

कोलकाताच्या ईडन गार्डन्सांत जावपी, टी-20 माळेंतल्या पांच मॅचींतल्या पयल्या मॅचींत, आयज सांजे भारत इंग्लंडा आड खेळतलो. सांजे 7 वरांचेर ही मॅच सुरू जातली. ही खेळामाळ कोलकातात सुरू जातली आनी उपरांत, उरिल्ल्या मॅचीं खातीर चेन्नय, राजकोट, पुणे, आनी मुंबय वतली. निमाणी टी-20 मॅच, 2 फेब्रुवारीक, मुंबयंत जातली.

फुटबॉल आयएसएल -

इंडियन सुपर लीग (आयएसएल) फुटबॉलांत काल रातीं, चेन्नईच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत, चेन्नयीन फुटबॉल क्लबान, लीग फुडारी मोहन बागान सुपर जायंट कडेन, 0-0 अशी बरोबरी केली. आता मोहन बागान 17 खेळांतल्यान 37 गूण मेळोवन पयल्या क्रमांकाचेर आसा, जाल्यार चेन्नयीन 18 गूण घेवन 10वे सुवातेर आसा. मॅचींत खर लढत जाली, दोनूय पंगड गोल करपाच्या संदीचो, फायदो घेवंक शकले नात. दोनूय वटांनी केल्ल्या रक्षात्मक यत्नांक लागून, गूण वांटून गेले. चेन्नयिन फुडें 25 जानेवारीक एफसी गोवा कडेन खेळटलो जाल्यार, मोहन बागान 27 जानेवारीक बेंगळुरू एफसी कडेन खेळटलो. आयज बेंगळुरूच्या श्री कांटीरावा स्टेडियमांत बेंगळुरू एफसी आनी  ओडिशा एफसी आड, सांजे सडे सात वरांचेर खेळ जातलो.

IMD 90

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन बिहार, अस्तंत बंगाल, झारखंड, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा वाठारानी रातच्या वेळार तशेच फातोडेर दाट धुकें पडटलें असो अदमास उक्तायला. तशेंच हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, हरियाणा, चंडीगढ, आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशातल्या कांय वाठारानी वीज पडपा वांगडा गडगडपाचो अदमास उक्तायला.

हवामान खात्यान दिल्ल्या म्हायतीप्रमाण सोमालियाच्या आखाताक लागीं आशिल्ल्या कोमोरिन वाठाराचेर आनी सोमालिया दर्यादेगेर आनी दर्यादेगेर अस्तंत मध्य आनी लागसारच्या नैऋत्य अरबी दर्याचेर वा-याचो नेट वराक 35 किलोमीटर ते वराक 55-65 किलोमीटर मेरेन जावपाचो असमास आसा. ह्या वाठारांनी नुस्तेमारांनी दर्यांत वचचे न्ही अशी शिटकावणी दिल्या.

परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीत वेंचणुकेच्या फाटभुयेर, भाजपाच्या बूथ पावड्यावेल्या कार्यकर्त्यांकडेन, संवाद सादतले.
- केंद्र सरकार आयज, बेटी बचाओ - बेटी पढ़ाओ अभियानाक, 10 वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान, नवी दिल्लीत कार्यावळीचे आयोजन करता.
- केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी हाणी काल, गोंयांतल्या वेगवेगळ्या म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण करून, ते राष्ट्राक समर्पित केले.
- उत्तरप्रदेशचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ आयज, प्रयागराजांत, खाशेली मंत्रीमंडळ बसका घेतले.
- कोलकाताच्या ईडन गार्डन्सांत जावपी, टी-20 माळेंतल्या पांच मॅचींतल्या पयल्या मॅचींत, आयज सांजे, भारत इंग्लंडा आड खेळतलो.

------------